Akashwani Panaji 2nd May 2026 National news 8.40 am

* केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी भारत-युएई व्यापक अर्थीक भागीदारी कराराक लागून भारतीय शेतकार, एमएसएमई, आनी हेर वेवसायांक परिवर्तनकारी संद मेळ्ळ्या अशें सांगलां.

* केंद्रीय पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्री हरदीप सिंग पुरी हांणी संवसारीक उर्जा संकश्टा वेळार उर्जा सुरक्षा घटमूट करपाच्या यत्नांतल्यान भारतान कच्च्या तेलाची सोर्सिंग बेस 41 देशांनी वाडयल्या अशें सांगलां.

*वेचणूक आयोगान  पश्चिम बंगालातल्या १५ मतदान केंद्रांर फेरमतदान घेवपाचे आदेश दिल्यात.

* केंद्रीय नागरी विमानन मंत्री के राममोहन नायडू हांणी , केंद्र आनी राज्य सरकारां नुस्तेकार समाजाच्या कल्याणा खातीर आनी उदरगती खातीर प्रामाणीकपणान वावुरतात ashe sangle

Aata puray khabro

Amit

बुध्द पोर्णिमाच्या खास निमतान केंद्रीय घरमंत्री अमित शाहा हाणी आयज लेहांतल्या जीवात्सलांत भगवान बुध्दाच्या पवित्र अवशेशांच्या प्रदर्शनाचें उक्तावण केलें. बुध्दपोर्णिमीच्या निमतान लद्दाखांतल्या लोकांक शुभेच्छा दितना घरमंत्री शाहा हांणी 75 वर्सां उपरांत लद्दाखांत हे पवित्र अवशेश आयल्यात हाचेर भर दिताना सांगलें... (Byte)

शाह

या वेळार लडाखचे नायब राज्यपाल व्ही. के. सक्सेना आणि केंद्रीय गृह सचिव यांच्यासयत खुपशे मानेस्त उपस्थित आशिल्ले. तथागत बुद्धांच्या पवित्र अवशेषांचे हे प्रदर्शन कालपासून या महिन्याच्या १४ तारखे मेरेन लडाखात आयोजित केला. प्रदर्शनाच्या उक्तावण सुवाळ्याक सुमार २० हजार लोक उपस्थित आशिले
हे वेळार उलयताना शाह हांणी म्हणले की, लडाखच्या भूमीतल्यान आयिल्लोसंदेश जगभरातल्या खुपशा साधकां खातीर जीवनात प्रगती करपाचे कारण थारला . या महिन्याच्या १० तारखेमेरेन पवित्र अवशेश ले हात जनते खातीर उक्ते आसतले उपरांत ते झांस्कर देंगणात व्हरतले, थंय ते दोन दिस प्रदर्शन खातीर दवरले. निमणे या महिन्याच्या १५ तारखेक दिल्लीक वतले

वेचणूक

वेचणूक आयोगान पश्चिम बंगालातल्या १५ मतदान केंद्रांर फेरमतदान घेवपाचे आदेश दिल्यात. राज्यात मगराहत पश्चिम विधानसभा मतदारसंघातल्या ११ मतदान केंद्रांर आणि डायमंड हार्बर विधानसभा मतदारसंघात ल्या चार मतदान केंद्रांचेर आज फेरमतदान जातले . मतदान सकाळी ७ ते सांजे ६ मजगती जातले. संबंधित वेचणूक अधिकारी आणि निरीक्षकांकडच्यान मेळील्या अहवालांच्या आधारान हो निर्णय घेतला अशे वेचणूक आयोगाने सांगितले. पश्चिम बंगालातल्या विधानसभा वेचणुकीच्या दुसऱ्या टप्प्यात या मतदान केंद्रांर बुधवारा मतदान जाल्ले. या अहवालांच्या आधारान आयोगान या मतदान केंद्रांवेली वेचणुक बाद घोषित केल्या. आयोगान या संदर्भात पश्चिम बंगालच्या मुख्य वेचणूक अधिकाऱ्यांक पत्र बरयला

गोवारीकर

माहिती व प्रसारण मंत्रालयान फामाद चित्रपट निर्माता आशुतोष गोवारीकर हांची गोयात जावपी 57 व्या आंतरराष्ट्रीय भारतीय चित्रपट महोत्सव( ईफ्फी) खातीर महोत्सव संचालक म्हणून नियुक्ती केल्या.गोवारीकर हे भारतीय चित्रपटसृष्टीतले उल्लेखनीय योगदान आशिल्ले नामनेचे दिग्दर्शक आसात. ईफ्फी वांगडा तांचो खुप दसकांचो संबंध असून, जागतिक चित्रपट संस्कृती आणि चित्रकलेच्या विकासाकडे त्यांचे सखोल नाते प्रतिबिंबित जाताआपल्या नियुक्तीबाबत मत व्यक्त करताना गोवारीकर हाणी म्हणले की, गोयातल्या 57 व्या आंतरराष्ट्रीय भारतीय चित्रपट महोत्सवाखातीर महोत्सव संचालक म्हणून काम करपाची संध मेळप हे त अत्यंत अभिमानास्पद आणि आनंददायी आसा. या महोत्सवाच्या प्रवासाचो साक्षीदार जावपाचो सन्मान लाभला अशे ताणी म्हळे.1984 त या महोत्सवात सहभागी जावपा पासुन ते 2024 मेरेन, जेन्ना आंतरराष्ट्रीय चित्रपट विभागा खातीर ज्युरी अध्यक्ष म्हणून काम केले, तो मेरेन हातुंत सातत्यपूर्ण सहभाग आसा.तेदेवेळा सावन वावर केल्यांनी घडयलेली, सांबाळलेली आणि विस्तारलेलीपरंपरा मुरार व्हरप हो व्हड सन्मान असून वांगडा नव्या जबाबदारीची जाणीवय आसा अशे तांणी म्हळे

एलपीजी

पश्चिम आशियातल्या परिस्थितीच्या फाटभुयेर भारतीय नागरिकांक ऊर्जा पुरवण आणि सुरक्षा सुनिश्चित करपाक उपाययोजना करपाक सरकार सज्जता सुनिश्चित करता आनी सगळ्यो आवश्यक उपाययोजना करता, अशे सांगले. पेट्रोलियम आणि सैमिक वायू मंत्रालयान एका निवेदनात म्हणला की, एलपीजीची साठेबाजी आणि काळाबाजार रोखपाक देशभरात अंमलबजावणीची कारवाय सुरू आसा आणि देशभरात २,३०० परस कांय सुवानांनी छापे घाले. मंत्रालयान सांगले की, उद्योग स्तरार

ऑनलाइन एलपीजी सिलेंडर बुकिंगात ९८ टक्क्यांनी वाड जाल्या आणि  सुमार ४१.६ लाख एलपीजी सिलेंडरच्या बुकिंगपैकी सुमार ४९.८ लाख घरगुती एलपीजी सिलेंडर वितरित केल्यात. डीलर्सचा गैरवापर टाळ पाक डिलिव्हरी ऑथेंटिकेशन कोड-आधारित वितरणात सुमार ९३ टक्क्यांमेरेन वाड जाल्या .

Goyal

केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी चार वर्सां आदीं लागू जाल्ल्या भारत-युएई व्यापक अर्थीक भागीदारी कराराक लागून भारतीय शेतकार, एमएसएमई, आनी हेर वेवसायांक परिवर्तनकारी संद मेळ्ळ्या अशें सांगलां. भारत आनी युएई हांचे मदले द्विपक्षीय वेपारी संबंद  वाडल्यात आनी  100 अब्ज डॉलर पार जाल्यात, सेवा वेपारूय स्थिरपणान वाडत आसा आनी नवी बाजारपेठ  उक्तें जालां अशें मंत्री  गोयल हानी  सोशल मिडिया पोस्टांत नदरेक हाडलां. रत्नां आनी दागिने, अभियांत्रिकी वस्तू, इलक्ट्रॉनिक्स, शेतकी अशा मुखेल क्षेत्रांनी विस्तार केल्ल्यान फायदो मेळटा अशेंय मंत्रीन उक्तायलें.

Puri

संवसारीक उर्जा संकश्टा वेळार उर्जा सुरक्षा घटमूट करपाच्या यत्नांतल्यान भारतान कच्च्या तेलाची सोर्सिंग बेस पयलीं 27 देशांतल्यान 41 देशांनी वाडयल्या अशें केंद्रीय पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्री हरदीप सिंग पुरी हांणी सांगलां. दक्षिण गुजरातांत जाल्ल्या व्हायब्रेंट गुजरात प्रादेशिक परिशदेंत उलयतना तांणी, संकश्ट वेवस्थापन करपाक दीर्घकालीन नियोजनाचो मुखेल वांटो आसा अशे सांगलें . देशी उत्पादन वाडोवपा विशीं मंत्री पुरी हांणी, शुध्दीकरण कारखान्यांत एलपीजीचें उत्पन्न चडांत चड करपाचे आदेश जारी जाले आनी आमी आमचें देशी उत्पादन 60 टक्क्यांनी वाडयलें अशे सांगलें .byte

## Naidu

केंद्रीय नागरी विमानन मंत्री के राममोहन नायडू हांणी , केंद्र आनी राज्य सरकारां नुस्तेकार समाजाच्या कल्याणा खातीर आनी उदरगती खातीर प्रामाणीकपणान वावुरतात. काल श्रीकाकुलम जिल्हयांतल्या एरामुक्कम हांगा भेट दितना केंद्रीय मंत्र्यानी  कोल इंडिया लिमिटेडच्या सीएसआर निधींतल्यान “मत्स्या सागरमाला” कार्यावळी खाला लायिल्ल्या सौर उर्जेचेर चलपी रस्त्यावयल्या दिव्यांचें उक्तावण केलें. हे वेळार उलयतना नायडू हांणी , वेंचणुकेच्या प्रचारावेळार नुस्तेमारांक कितले त्रास सोंसचे पडटात तें आपूण समजून घेतलां आनी ताचेर उपाय काडपाचे यत्न करीत आयल्यात. मत्स्य सागरमाला कार्यावळी खाला नुस्तेमारी गांवांनी सौर लायटी लावपाचो निर्णय सरकारान घेतला अशें तांणी सांगलें. पयल्या पांवड्याचो  एक भाग म्हूण श्रीकाकुलम जिल्हयांतल्या 100 नुस्तेमारी गांवांनी 1400 सौर लायटी लायल्यात. दुसर् या पांवड्यार  आनीक सौर लायटी बसयतले अशें तांणी सांगलें. तशेंच नुस्तेमारी गांवांक रस्त्यांची जोडणी सुदारपा खातीर आनी पर्यटन थळ म्हणून तांची उदरगत करपा खातीर पावलां उबारतात अशें तांणी  सांगलें. प्रस्तावीत मुलापेटा ग्रीनफील्ड बंदर आनी भोगापुरम आंतरराष्ट्रीय विमानतळा वरवीं रोजगाराची संद निर्माण जातली आनी उत्तर आंध्र हें एक मुखेल अर्थीक केंद्र म्हणून उदेंवपाक मजत जातली असो विस्वास तांणी उक्तायलो.

## Census

जनगणना 2027 च्या पयल्या पांवड्या खाला हाऊसलिस्टिंग आनी हाउसिंग जनगणना खातीर (एचएलओ) शेतकी कार्यावळी काल सावन आंध्र प्रदेश, अरुणाचल प्रदेश, हरियाणा, चंडीगढ़, मध्य प्रदेश आनी छत्तीसगडांत सुरू जाल्यात. ह्या राज्यांनी आनी संघराज्यांत अधिसुचीत केल्लो 15 दिसांचो स्वताची गणना काळ पुराय जाले उपरांत अशें जाता. ह्या म्हयन्याच्या 30 तारखे मेरेन हो व्यायाम चालू उरतलो आनी ह्या वेळार प्रशिक्षीत गणक घरां घरांत भेट दिवन म्हायती एकठांय करतले अशें गृह मंत्रालयान सांगलां.

Announcement

आकाशवाणी पणजी केंद्राचा खबरा विभागा वरवी ‘वृत्तनिवेदकाच्या’ पदाखातीर कराराचेर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. अर्ज करपाक निमणी तारीख 17 मे २०२६ आसा .

Imd

भारतीय हवामान खात्यान फाल्यां आसाम, मेघालय, हिमालय, अस्तंत बंगाल आनी सिक्किमात उटानगराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.

SPORTS

झारखंडांतलो सात वर्सांचो भुरगो इशांक सिंगा पाल्क सामुद्रधुनी हुंपपी सगळ्यांत तरणाटो पेवपी थारला.

दिल्या.

Partun ek favt aycho Mukhel khabro

* केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी भारत-युएई व्यापक अर्थीक भागीदारी कराराक लागून भारतीय शेतकार, एमएसएमई, आनी हेर वेवसायांक परिवर्तनकारी संद मेळ्ळ्या अशें सांगलां.

* केंद्रीय पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्री हरदीप सिंग पुरी हांणी संवसारीक उर्जा संकश्टा वेळार उर्जा सुरक्षा घटमूट करपाच्या यत्नांतल्यान भारतान कच्च्या तेलाची सोर्सिंग बेस 41 देशांनी वाडयल्या अशें सांगलां.

*वेचणूक आयोगान  पश्चिम बंगालातल्या १५ मतदान केंद्रांर फेरमतदान घेवपाचे आदेश दिल्यात.

* केंद्रीय नागरी विमानन मंत्री के राममोहन नायडू हांणी , केंद्र आनी राज्य सरकारां नुस्तेकार समाजाच्या कल्याणा खातीर आनी उदरगती खातीर प्रामाणीकपणान वावुरतात ashe sangle

---------------